आकाशवाणी पणजेच्या

प्रादेशिक खबरा

Panaji regional

25 may 2026 7:20 pm

मुखेल खबरो.

- 28 ते 30 मे मेरेन मांडवी, जुवारी, शापोरा, तेरेखोल न्हंयत उदका तपासणी चलतली ह्या फाटभूएर नाविकांक खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करपाची कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्याची कळोवणी
- गोंय घटक राज्य दीसाच्या सुवाळ्यानिमतान उपराष्ट्रपती डॉ. सी. पी. राधाकृष्णन हे गोंयांक भेट दितलें.
- पॅत्रोलाचो दर दोन रुपया 61 पैशांनी जाल्यार डिजेलाचो दर दोन रुपया 71 पैशांनी वाडिल्ल्यान हेर राज्यांसयत गोंयांतूय पॅत्रोल आनी डिजेल म्हारग जालां.
- २०२७ चे वेचणूके आदी गोयांत एसटी समाजाक राजकीय आरक्षण दिवपाचे मुखेल मंत्र्यांचे आवाहन

**उदका तपासणी 90**

दोनापावलाच्या राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेवतीन न्हंयांच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो. 28 मे दिसा मांडवी न्हंयत नुस्तेमारी जेटी पणजी, 29 मे दिसा तेरेखोल न्हंयत केरी हांगा आरोंदा पुलासकयल्या वटेनच्या वाठारांत, 30 मे दिसा जुवारी न्हंयत बोरी पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत आनी शापोरा न्हंयत कोलवाळ-धारगळ पुलाच्या वयले वटेनच्या वाठारांत न्हंयच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो.

ते खातीर वयल्या न्हंयांतल्यान येरादारी करपी सगळयों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या दिसांनी खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

**उपराष्ट्रपती गोंय 70**

गोंय घटक राज्य दीसाच्या सुवाळ्यानिमतान उपराष्ट्रपती डॉ. सी. पी. राधाकृष्णन हे गोंयांक भेट दितलें. कला अकादमीत जावपी घटक राज्य दीसाच्या सुवाळ्याक उपराष्ट्रपती मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतलें.

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हे 29 मे रोजी गोंयांत पावतलें. शनवारा 30 मे रोजी सकाळी 10 वराचेर कला अकादमीत घटक राज्य दीसाची मुखेल कार्यावळ जातली. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेच हेर मानेस्त कार्यावळीक हाजीर आसतलें. ही कार्यावळ जाले उपरान दनपारा 12.30 वराचेर उपराष्ट्रपती एनआयओक भेट दितले.

**पॅत्रोल, डिजेल दर 115**

पॅत्रोलाचो दर दोन रुपया 61 पैशांनी जाल्यार डिजेलाचो दर दोन रुपया 71 पैशांनी वाडिल्ल्यान हेर राज्यांसयत गोंयांतूय **पॅत्रोल** आनी डिजेल म्हारग जालां. दरवाडी उपरान राज्यांत पॅत्रोल 103.91 रूपया जाल्यार डिजेल 95.80 रूपया लीटर जालां. स्पीड पॅत्रोलाचो दर 113.52 रूपया आसा. पॅत्रोल, डिजेलाचेर दर वाडिल्ल्यान जीवनावश्यक वस्तूंचे दर वाडपाची भिरांत आसा. सगळ्यांत पयली 15 मेयाक पॅत्रोल आनी डिजेलाचो दर 3 रूपयांनी वाडयलो. हे दरवाडी उपरान गोंयांत पॅत्रोलाचो दर 99.50 जाल्यार डिजेलाचो दर 91.25 रूपया जालो. हाचे उपरान 19 मेयाक पॅत्रोल आनी डिजेलाचे दर 90 पयशानी वाडयले. उपरान 23 मेयाक पॅत्रोलाचो दर 87 पयशें जाल्यार डिजेलाचो दर 91 पयशांनी वाडयलो. पॅत्रोल, डिजेलाचे दर वाडत आसताना आयज सोमारा पॅत्रोलाचो दर 2.61 रूपया जाल्यार डिजेलाचो दर 2.71 रूपया वाडयला. सगळ्या दरवाडीची बेरीज केली जाल्यार पॅत्रोल, डिजेल 7.5 रूपयानी म्हारग

जालां.दरवाड जावन लेगीन हेर राज्यांपरस गोंयांत पॅत्रोल आनी डिजेल सवाय आसा. मुंबयत पॅत्रोल 111.20 रूपया जाल्यार डिजेल 97.80 रूपया लीटर जाला. बंगळूरूत पॅत्रोल 110.60 रूपया जाल्यार डिजेल 98.50 रूपया जालां.

**आता मुखावयल्यो खबरो.**

गोंय राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान राज्यातल्या सरकारी आनी अनुदानित माध्यमिक तशेंच उच्च माध्यमिक विद्यालयांतल्या शिक्षकांखातीर 'सेंटर फॉर कल्चरल रिसोर्सेस अँड ट्रेनिंग' केंद्रान आयोजीत केल्ल्या प्रशिक्षण कार्यावळींखातीर अर्ज मागयल्यात. या प्रशिक्षण कार्यावळींत वांटो घेवपाक इच्छुक आशिल्ल्या शिक्षकांचीं नांवां शाळा मुख्याध्यापकानी सुचोवचीं अशें G - SCERT न मांगला. या प्रशिक्षणाखातीर अर्जदार शिक्षकाची पिराय ५२ वर्सां परस उणी आसची, तशेच ते नियमित सेवेंत आसपाक जाय.  तशेंच तांकां इंग्लीश भाशेचें गिन्यान आसप गरजेचें आसा. ज्या शिक्षकांनी आदीं अशी CCRT ची खंयचीच प्रशिक्षण कार्यावळ पुराय केल्या, ते ह्या खातीर पात्र थरचेनात. दरेक शाळेन  फकत एकाच शिक्षकाची शिफारस करची. इच्छुक शिक्षकांनी आपले अर्ज GSCERT, कार्यालयांत वचून जमा करचे वा gscert.training@gmail.com या ईमेल पत्त्याचेर धाडचे अशे GSCERT च्या संचालिका मेघना शेटगांवकर हांणी मांगला.

**प्रेरणा दिस 180**

गोयांतल्या एसटी समाजाच्यो मुखेल मागण्यो  भाजप सरकार सत्तेर आसा तेन्नाच मान्य जाल्यात. आता ह्या समाजाक राज्यात राजकीय आरक्षणय भाजप सरकारच दितले अशें उतर मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी आज दिले. २०२७ वर्सा जावपी विधानसभा वेचणूके आदी हे आरक्षण मेळतले अशें ताणी सांगले.

गोय राज्याचे आदिवासी कल्याण खाते आणि उटा या संघटनेन आंबावली केपे हांगा घडवन हाडिल्ल्या प्रेरणा दिस कार्यावळीत ते उलयताले. एसटी समाजाच्यो हेर मागण्योय सरकार मान्य करतले अशें ताणी सांगले.

२५ मे २०११ ह्या दिसा जाल्ल्या आंदोलनात मंगेश गावकर आणि दिलीप वेळीप ह्या दोन तरनाट्यांक मरण आयिल्ले. त्या दिसाचो उगडास म्हणून दरवर्सा हो दिस प्रेरणा दिस म्हणून पाळतात.

ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यांचे हस्तुकी आदिवासी कल्याण खात्यान तयार केल्लो व्हिजन डॉक्युमेंट सयत धरती आबा सुविधा केंद्र, राना अधिकार ॲटलास, सुधारित अटल आवास योजना, आदिवासी पाककला पुस्तक आदींचे उक्तावण केले.

ह्यावेळार रान अधिकार कायद्याखाला लोकांक जमिनीच्यो सनदी वाटल्यो. सरकारी खात्याक जी अर्थसंकल्पीय तजवीज केल्या तांतली १० टक्के रक्कम आदिवासी कामाखातीर वापरतले आणि सरकारी खात्यात आदिवासी खातीर ज्यो राखीव सुवातो भरपाच्यो आसात त्योय रोखड्योच भरतले अशें मुखेल मंत्र्यांनी सांगले.

ह्यावेळार धाकू मडकईकार, डॉ. मधू घोडकिरेकर, शशिकांत गावकर आणि रोनाल्डो गोंसाल्विस हांका आदिवासी प्रज्ञावंत पुरस्कार भेटयले.

**माधवराव ढवळीकर ट्रस्ट 157**

पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हांणी इंधन बचती खातीर जायते पर्याय उबे करपाचें आवाहन केलां. तांकां प्रतिसाद दितना आपणू स्वतः सुद्धा नवे नवे पर्याय सोदूंक जाय. आयज दरेका शाळेंत बालरथ सुविधा आसा. पालकांनी विद्यार्थ्यांक बालरथांतल्यान प्रवासाक प्राधान्य दिवचें, शिक्षकांनीय स्वताच्या गाडये बदला बालरथानूच शाळेंत वचचें अशें आवाहन वीज मंत्री सुदिन ढवळीकर हांणी केलां.

कवळे हांगच्या श्री सरस्वती प्राथमिक विद्यालयाक माधवराव ढवळीकर ट्रस्टा वरवीं नवी स्कूलबस दिल्या. हे बसेच्या लोकार्पण वेळार ते उलयताले. ह्या वेळार सरपंच मनुजा नाईक, कुंडयचो सरपंच सर्वेश जल्मी, जि. पं. वांगडी गणपत नाईक, उपसरपंच सुशांत कपिलेश्वरकार, शाळेचो अध्यक्ष संतोष रामनाथकार, उपाध्यक्ष उदय कवळेकार हाजीर आशिल्ले. मंत्री ढवळीकार हानी फुडें उलयतना, पंतप्रधान मोदी हांणी इंधन बचती विशीं जें आवाहन केलां, ताचो आमी  पालन करुया अशें म्हळे.

Announcement – **100**

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर, पीराय 21 ते 50 वर्सां कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान - इंग्लीश- कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आनी प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा.

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्याच्या पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ल्या निरीक्षणाप्रमाण आयज आणि फाल्या अशे दोन दिस उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांनी एकसुरे सुवातींनी सांजवेळा वा रातच्या वेळार जोगला आनी गडगडा सयत तासाक ३० ते ४० किलोमीटर वेगाचेवादळी वारे मारपाची शिटकावणी दिल्या.तशेच काय सुवातिनि जोगला मारून पावस पडपाची शक्यताय आसा.

**परतून एक फावट काय मुखेल खबरो.**

- 28 ते 30 मे मेरेन मांडवी, जुवारी, शापोरा, तेरेखोल न्हंयत उदका तपासणी चलतली ह्या फाटभूएर नाविकांक खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करपाची कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्याची कळोवणी
- गोंय घटक राज्य दीसाच्या सुवाळ्यानिमतान उपराष्ट्रपती डॉ. सी. पी. राधाकृष्णन हे गोंयांक भेट दितलें.
- पॅत्रोलाचो दर दोन रुपया 61 पैशांनी जाल्यार डिजेलाचो दर दोन रुपया 71 पैशांनी वाडिल्ल्यान हेर राज्यांसयत गोंयांतूय पॅत्रोल आनी डिजेल म्हारग जालां.
- २०२७ चे वेचणूके आदी गोयांत एसटी समाजाक राजकीय आरक्षण दिवपाचे मुखेल मंत्र्यांचे आवाहन